**कायदो सेवा प्राधिकरणाचेर अनधिकृत वांगडी नेमपाखातीर नामाकनां मागयल्यात**

ता. 8 जुलय 2021

गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणाचेर दोन वर्साच्या काळाखातीर अनधिकृत वांगड्यांची नेमणूक करपाखातीर प्राधिकरणान आवश्यक अणभव आनी पात्रताय आशिल्ल्या व्यक्तिकडल्यान आपखोशी नामांकनां मागयल्यात.

अनुसूचीत जाती, अनुसूचीत जमाती, बायलां, भुरगीं, ग्रामीण आनी शारी कामगारांसयत समाजातल्या दुबळ्यां घटकांतल्या लोकांच्या उन्नतीचे काम करपी नामनेचे समाज सेवक वा कायदो क्षेत्रातली नामनेची व्यक्ती वा खास करून कायदो सेवा येवजणांची अंमलबजावणी करपाची इत्सा आशिल्ले व्यक्ती आपली नामांकनां धाडपाक शकतात.

इत्सुकांनी आपली नामांकनां पुराय म्हायतीसयत ता. 14 जुलय 2021 मेरेन वांगडी सचीव, गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरण, नवी उच्च न्यायालय इमारत, लायसियम कॉम्पलेक्स, आल्तिन, पणजी ह्या नाम्याचेर रजिस्टर्ड टपालान धाडची वा Email ID: ms-gslsa.goa@nic.in वा http://www.slsagoa.nic.in ह्या संकेतथळावयल्यान धाडची.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/572

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji